# मुख्यमंत्र्याहस्तूकीं सात नव्या 108 रूग्णवाहिकांचे उक्तावण

ता. 23 डिसेंबर 2017
2 पौष 1939

मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांणी आयज भलायकी मंत्री श्री. विश्वजीत राणे हांच्या उपस्थितीत सात नव्या 108 रूग्णवाहिकांचे उक्तावण केले.

वेंटिलेटरासयत हेर आवश्यक मुळ उपचार सुविधा आशिल्यो ह्यो रूग्णवाहिका 33 जाग्यांचेर उपलब्ध आसतल्यो. राज्यात 108 रूग्णवाहिकांखेरीत कार्डियाक रूग्णवाहिका सुरू करपाचो सरकारचो विचार आसा. 108 रूग्णवाहिकांक लागून लोकांक उपचाराखातीर हॉस्पिटलांनी पावोवपाक बरी सुविधा उपलब्ध जाता. काय पोरण्यो रूग्णवाहिकां हर्सव्हॅन म्हूण वापरात हांडपाचो भलायकी खात्यान निर्णय घेतला, अशें भलायकी मंत्र्यान सांगला.

भलायकी सेवा संचालक डॉ. संजीव दळवी, गोंय वैजकीय महाविद्यालयाचे डीन डॉ. प्रदीप नाईक, 108 रूग्णवाहिका सेवा प्रमुख श्रीनिवास देशपांडे, संतोष नेर्लेकर आनी हेर अधिकारी ह्यावेळार हजर आशिल्लें.